# नुस्तेंमारी अल्प मुजत प्रशिक्षण अभ्यासक्रम प्रवेश

ता. 3 जून 2025

नुस्तेमारी संचालनालयान  एला धावजी ओल्ड गोवा हांगाच्या नुस्तेमार प्रशिक्षण केंद्रात 1 जुलय 2025 सावन सुरू जावपी 6 म्हयने काळाच्या अभ्यासक्रमाखातीर अर्ज मागयल्यात.

क्राफ्ट्स एण्ड गीयर्स, नेव्हिगेशन एण्ड सिमॅनशीप, मरिन डिजेल मशीन देखभाल आनी चालू करप, आधुनिक जाळां विणप, सिफुड व्हॅलू एडिशन एण्ड मार्केटिंग, अक्वाकल्चर, एक्वेरिएम तयार करप आनी पेंवपा प्रशिक्षणाचो अभ्यासक्रमात आस्पाव आसा.

वयल्या प्रशिक्षण अभ्यासक्रम प्रवेशाखातीर कमीत कमी 8 वी पास आनी 18 ते 35 वर्सां पिराय गटातले उमेदवार पात्र आसात. अनुसूचीत जाती आनी जमाती तशेंच अणभव आशिल्ल्या नुस्तेमारी करपी समाजातल्या उमेदवारांक प्राधान्य दितले. अभ्यासक्रमा खातीर 20 उमेदवारांक प्रवेश दितले.

अभ्यासक्रमांक प्रवेश  घेतिल्ल्या उमेदवारांक म्हयन्याक 1000/- रूपया विद्यावेतन दितले. तशेंच नुस्तेमारी ट्रिपीप्रमाण दिसाक 100/- रूपया डीए दितले. ह्या अभ्यासक्रमाखातीर अर्ज करपाची निमाणी ता. 20 जून 2025 आसा.

इत्सुक उमेदवारांनी अर्ज  आनी चड म्हायती खातीर एला धावजी ओल्ड गोवा हांगाच्या नुस्तेमार प्रशिक्षण केंद्रात वा नुस्तेमारी  संचालनालयाचे कार्यालय, पणजी हांगा 0832-2224838 ह्या फोन नंबराचेर वा नुस्तेमारी  संचालनालयाच्यो अधिक्षक डॉ. सुनिता पावसकर मो. नं. 9850764554 वा सिध्देश केरकर मो. नं. 9421248792  हांचे कडेन संपर्क करचो वा www.fisheries.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/509

-----------------------------------------------------------------------------------

Issued by

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.